11 January 2024 सकाळी - 8.40

मुखेल खबरो

- केंद्रीय घर मंत्री अमित शाह आयज नवी दिल्लींत, घुंवळी वखदां तस्करी आनी राश्ट्रीय सुरक्षा हे विशीं, प्रादेशिक परिशदेचे अध्यक्षपद सांबाळटले.

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्यां नवी दिल्लीतल्या भारत मंडपमांत, राष्ट्रीय युवा दिसा निमतान जावपी विकसित 'भारत युवा फुडारी संवाद 2025' हातूंत वांटो घेतले.

- वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी, फुडल्या पांच वर्सांत अन्न आनी पेय पदार्थ, शेतकी आनी दर्यांतले उत्पादनातल्यान, भारताची एकत्रीत निर्यात 100 अब्ज डॉलर मेरेन पावपाचे लक्ष्य दवरला.

- मलेशिया उक्त्या बॅडमिंटनांत सर्तीच्या सेमी फायनलीत आयज, भारताची सत्विक सैराज रँकिरेडी आनी चिराग शेट्टी हि जोडी, दक्षिण कोरियाच्या जोडी कडेन खेळतली.

शाह-ड्रग वेपार परिशद -

केंद्रीय घर मंत्री अमित शाह आयज नवी दिल्लींत, घुंवळी वखदां वेव्हार आनी राश्ट्रीय सुरक्षा हांचे विशीं, प्रादेशिक परिशदेचे अध्यक्षपद सांबाळटले. नार्कोटिक्स नियंत्रण ब्युरोन (एनसीबी) आयोजीत केल्ल्या हे परिशदेचो हेत, घुंवळी वखदां वेव्हाराचो वाडत आशिल्लो हुस्को आनी ताचो राश्ट्रीय सुरक्षाचेर जावपी परिणाम हांचेर, उपाय काडपाचो आसा. उत्तर भारतांतल्या आठ राज्यां आनी केंद्र शासित प्रदेशांचेर खासा लक्ष केंद्रीत केलां. ह्या कार्यक्रमांत मंत्री शाह, घुंवळी वखदां विलोपन पखवाड मोहीम सुरू करतले आनी एनसीबीच्या भोपाळ विभागीय युनिटाच्या, नव्या कार्यालय संकुलाचें उक्तावण करतले. तशेच मानस-2 हेल्पलायनीचो सगळ्या राज्या आनी केंद्र शासित प्रदेशांनी विस्तार करतले.

ह्या म्हयन्याचे 25 मेरेन चालू आशिल्ल्या पखवाडा मोहिमेंत, 44 हजार किलो परस चड जप्त केल्ल्या घुंवळी वखदांचो विलो लावप जातले, जाचें आंतरराष्ट्रीय बाजारांतलें मोल 2 हजार 411 कोटी रुपया आसा.

PM-YOUNG LEADERS DIALOGUE

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्यां नवी दिल्लीतल्या भारत मंडपमांत राष्ट्रीय युवा दिसा निमतान जावपी विकसित भारत युवा फुडारी संवाद 2025 हातूंत वांटो घेतले. भारतांतले एक व्हड आध्यात्मिक फुडारी तशेच युवा प्रतिक स्वामी विवेकानंद हांच्या जल्मदिसाच्या उगडासांत ही कार्यावळ आयोजीत केल्या. ह्या कार्यावळीवेळार प्रधानमंत्री मोदी देशभरांतल्या तीन हजार तरणाट्या फुडाऱ्यां कडेन संवाद सादतले. तशेंच ह्या वेळार प्रधानमंत्री धा विशयांचेर भाग घेवप्यांनी बरयल्ल्या उत्कृश्ट निबंदांचें संकलन प्रकाशित करतले. हातुंत तंत्रगिन्यान, टिकावूपण, बायलां सशक्तीकरण, उत्पादन, शेती अशा वेगवेगळ्या विशयांचो आस्पाव जाता. तशेंच जेवणावेळार, वाटेकार जावपी तरणाट्या फुडाऱ्यांक आपले विचार, अणभव आनी आकांक्षा थेट प्रधानमंत्र्यांकडेन व्यक्त करपाची संद मेळटली. पारंपारीक पद्दतीन राष्ट्रीय युवा महोत्सव घडोवन हाडपाची 25 वर्सां आदली परंपरा मोडप हो विकसीत भारत युवा फुडाऱ्यां कडेन संवाद सादपाचो हेत आसा. प्रधानमंत्री मोदी हांणी स्वातंत्र्य दिसा केल्ल्या आवाहना प्रमाण एक लाख तरणाट्यांक राजकी संबंद नासतना राजकारणांत गुंतवप आनी तांकां विकसित भारता खातीर आपले विचार तयार करपाक राष्ट्रीय माची दिवपाच्या दिकेन हे एक पावल असा.

GOYAL-INDUSFOOD 2025

फुडल्या पांच वर्सांत अन्न आनी पेय (एफ अँड बी), शेतकी, आनी दर्यांतले उत्पादन ह्या उद्देगांतल्यान भारताची एकत्रीत निर्यात 100 अब्ज अमेरिकन डॉलर मेरेन पावपाची तांक आसा अशें वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी सांगलां. हे लक्ष्य साध्य करपा सारकें आसा, ताका लागून वर्सुकी वाडीचो एकूण दर 14 ते 15 टक्के आसचो पडटलो अशे नवी दिल्लींत इंडसफूड 2025 वेळार संबोधीत करतना ताणी सांगले.

मंत्री गोयल हाणी अन्न आनी पेयां क्षेत्राक सरकारान दिल्ल्या सेगीत आदाराचेर भर दिलो. सरकारान एफ अँड बी क्षेत्रांत शंबर टक्के प्रत्यक्ष परकी गुंतवणूक करपाक परवानगी दिल्या आनी परकी नागरिकांक भारतांत वेवसाय स्थापन करपा खातीर कामाचे परवाने मेळोवपाक सोंपें केलां अशेय ताणी सांगले.

भारतीय कंपनींनी नवनिर्माण, बरे पॅकेजींग, टिकावूपण हातूंत गुंतवणूक करची आनी नितळसाण आनी कार्यक्षमताय वाडोवपा खातीर आपल्यो प्रक्रिया यंत्रीक करच्यो असो उलो मंत्री गोयल हांणी मारला. देशांतल्या अन्न सुरक्षा कार्यावळी खातीर सरकारान वापरूं येता अशीं उच्च मोलाचीं पोशण उत्पादनां तयार करपाक तांणी भागधारकांक प्रोत्साहन दिलें

शेतकी प्रक्रिया चड टिकावू करप, सेंद्रीय शेतीक चालना दिवप, देशभरांत अन्न चांचणी प्रयोगशाळा वाडोवप हाचेर सरकारान लक्ष केंद्रीत केल्ल्याचे वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी सांगलां.

पीएम Modi फ्रांस -

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फ्रांस भोंवडेर वचपाचे आसात. उपरांत फुडल्या म्हयन्यांत जावपी, आर्टिफिशियल इंटेलिजन्स (एआय) शिखर सभेंत ते वांटो घेतले, अशें फ्रांसाचे राष्ट्राध्यक्ष इमान्युएल मॅक्रॉन हांणी जाहीर केलां. फ्रेंच राजदूत परिशदेंत उलयतना राष्ट्राध्यक्ष मॅक्रॉन हांणी एआय शिखर सभेविशी म्हायती दिली. कृत्रिम बुद्धीचेर अर्थपूर्ण चर्चा वाडोवपाचो हेत आशिल्ली हि कृती खातीर शिखर परिशद, अशे तांणी सांगले. फ्रांस भेटी उपरांत रोखडेंच, प्रधानमंत्री मोदी ह्या शिखर सभेंत हाजीर रावतले. कृत्रिम बुध्दीमत्तेच्या मुखेल विशयाचेर, सगळ्या मुखेल जागतीक सत्ते मदीं, संवादाक माची मेळटली, हांचेर तांणी भर दिलो.

PM-UP CM

उत्तर प्रदेशाचे मुख्यमंत्री योगी आदित्यनाथ हांणी काल नवी दिल्लींत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांची भेट घेतली. प्रधानमंत्र्यांच्या मार्गदर्शनान आनी प्रेरणेन प्रयागराजांत जावपी महाकुंभ-2025 हो ऐतिहासिक तशेच अभिमानाचें प्रतीक थारतलें अशे उपरांत सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत मुख्यमंत्री योगी आदित्यनाथ हाणी सांगलें. नव्या भारताक ताच्या दैवी, भव्य आनी डिजिटल रुपांत दाखयतले अशें तांणी सांगलें.

ह्या म्हयन्याच्या 13 ते 26 फेब्रुवारी मेरेन उत्तर प्रदेशांतल्या प्रयागराज हांगा महाकुंभ मेळो जावपाचो आसा.

## महा कुंभ सायबर

उत्तर प्रदेशांतल्या प्रयागराजांत जावपी, महाकुंभात, अध्यात्म आनी नवनिर्माण हांचो असामान्य मेळ जावपाचो आसा. तशेच पवित्र परंपरा आनी अत्याधुनीक डिजिटल प्रगती एकठांय हाडपाचो आसा. ह्या भव्य कार्यावळी वेळार, सायबर धमक्यो आडावपा खातीर खाशेली वेवस्था केल्या. महाकुंभांत सायबर गस्त घालपा खातीर 56 समर्पीत, सायबर वॉरियर आनी तज्ञ नेमल्यात. फटीचे वेबसायटी, सोशल मिडिया घोटाळे आनी बनावट दुवे सारकिल्या, सायबर धमक्यांक आळाबंदा हाडपा खातीर, महाकुंभ सायबर पुलीस स्टेशन स्थापन केलां. सायबर धमक्यांविशीं जागृताय करपा खातीर, महाकुंभ वाठारांत ४० व्हेरिएबल मेसेजिंग डिस्प्ले स्थापन करतात. हे खातीर 1920 हो समर्पीत हेल्पलायन क्रमांक सुरु केल्या. सायबर तज्ञ, ऑनलायन धमक्यांचेर सक्रियपणान नियंत्रण दवरतात आनी सोशल मिडिया माध्यमांचेर शोशण करपी गटांची, चवकशी करतात. तशेंच व्हड प्रमाणांत भौशीक जागृताय मोहिमेक, मोबायल सायबर पंगड तैनात केला. सध्या तज्ञांच्या पंगडान, सुमार 50 दुबावीत संकेतथळां सोदून काडल्यात आनी तांचे आड कारवाय सुरू आसा.

## Madhya Pradesh Samvidhan Gaurav Abhiyan

भारतीय संविधानाची 75 वर्सां पुराय जाल्ल्याची परब मनोवपा खातीर मध्य प्रदेशांत भारतीय जनता पार्टी आयच्यान संविधान गौरव अभियान सुरू करतले. ह्या उपक्रमांतल्यान भारतीय संविधानाच्या मुल्यांचो आनी तत्वांचो प्रसार जातलो आनी बाबा साहेब डॉ. भीमराव आंबेडकार हांका आर्गां ओपतले.

"भाजपाचे संविधान गौरव अभियान आयच्यान 25 जानेवारी मेरेन चलतले. मोहिमे खाला अनुसुचीत जाती, बायलां आनी तरणाट्यां कडेन संपर्क सादून संविधानाच्यो प्रती वांटतले. हाचे भायर भौशीक बसके वरवींय लोकांक जागृत करतले. संविधान गौरव अभियान खाला, भोपाळ सयत राज्यांतल्या सगळ्या जिल्हयांनी परिसंवाद आयोजीत करतले.

निमाणे दिसा भाजपा कार्यकर्ते दरेका बूथाचेर संविधानाची प्रस्तावना वाचतले. तेच बरोबर काँग्रेस 26 जानेवारीक डॉ. आंबेडकरांची जल्मभूंय आशिल्ल्या म्होव हांगा जय भीम, जय बापू, जय संविधान रॅलीय आयोजीत करतली. हे रॅलींत राष्ट्रीय अध्यक्ष मल्लिकार्जुन खर्गे आनी राहुल गांधी वांटो घेतले.

BJP's Central Election Committee

दिल्ली विधानसभा वेंचणुके खातीर पक्षाच्या उमेदवारांचें नांव थारावपाखातीर भाजपाचे केंद्रीय वेंचणूक समितीन काल सांजे नवी दिल्लींत बसका घेतली. पक्षाच्या मुखेल कार्यालयांत जाल्ले हे बसकेक प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी, भाजपाचे अध्यक्ष जे पी नड्डा, केंद्रीय मंत्री अमित शाह आनी राजनाथ सिंग तशेच हेर पक्षाचे वडिल फुडारी तशेंच दिल्ली भाजपा गटाचे फुडारी हाजीर आशिल्ले.

हाचे आदीं पक्षाच्या मुख्यालयांत पावतकच प्रधानमंत्री मोदी हांणी कार्यावळीचें वार्तांकन करपा खातीर थंय हाजीर आशिल्ल्या पत्रकारांक नवें वर्स, लोहरी आनी मकर सक्रांतीचीं परबीं दिली.

बॅडमिंटन मलेशिया -

बॅडमिंटनांत आयज कुआलालंपूरांत जावपी मलेशिया सुपर 1000 सर्तीच्या, उपांत्य फेरयेंत, भारताची सत्विक सैराज रँकिरेडी आनी चिराग शेट्टी हि दादल्यांची दोट्टी जोडी सीओ सेंग-जे आनी किम वोन-हो ह्या दक्षिण कोरियाच्या जोडी कडेन खेळतली. भारतीय वेळा प्रमाण सुमार 1 जावन 40 मिनिटांचेर, ही मॅच सुरू जावपाची आसा. हाचे आदीं क्वार्टर फायनलींत भारतीय जोडयेन मलेशियाच्या य्यू सिन ओंग आनी ई यी तेओ हांचेर, 26-24 आनी 21-15 अशे सरळ खेळांत जैत मेळयलें.

हॉकी इंडिया लीग -

दादल्यांच्या हॉकी इंडिया लीगांत काल सांजे, रौरकेला हांगाच्या बिरसा मुंडा आंतरराष्ट्रीय हॉकी स्टेडियमांत जाल्ल्या, रोमांचक मॅचींत तमिळनाडू ड्रॅगन्स संघान, श्राची रारह बंगाल टायगर्साक, 2 आड 1 अशे हरयले. ह्या जैताक लागून तमिळनाडू पंगड, पांच मॅचींतल्यान तीन मॅची जिखून, तशेच शूटआउटांत एक मॅच जिखून, गूणतक्त्यात, पयल्या क्रमांकाचेर पावला.

आयज भारतीय वेळाप्रमाण सांजे 6 वरांचेर सुरू जावपी, पयले मॅचींत हैदराबाद टूफन्स आनी सूरमा हॉकी क्लबा आड खेळ जातलो. जाल्यार, सांजे दुसरे मॅचींत दिल्ली एस जी पायपर्स आनी यूपी रुद्रास हांचे मर्दी, 8:15 वरांचेर खेळ जातलो. दोनूय मॅची रौरकेला हांगाच जातल्यो.

MORN IMD WEATHER

भारतीय हवामान खात्यान पंजाब, हरियाणा, चंडीगढ, उत्तर प्रदेश, राजस्थान, आनी मध्य प्रदेशांतल्या कांय वाठारांनी रातीं आनी फातोडेर दाट धुकें पडपाचो अदमास उक्तायला. उपहिमालयन अस्तंत बंगाल, सिक्किम, बिहार, ओडिशा, आनी उत्तर उदेंत वाठारांनी फुडल्या दोन दिसांत अशीच परिस्थिती उप्रासपाची शक्यताय आसा. फुडल्या 3 दिसांत उत्तर अस्तंत भारतात उण्यांत उणें तापमान 2 ते 3 डिग्री सेल्सियस वाडपाची शक्यताय आसा.

मजगतीं, ह्या सप्तकाच्या शेवटाक तमिळनाडू, पुडुचेरी, आनी कराईकल वाठारानी उटंगाराच्या पावसाचो अदमास आसा आनी राजस्थान, उत्तराखंड, उत्तर प्रदेश, आनी मध्य प्रदेशांतल्या कांय वाठारानी गडगडपाची शक्यताय आसा.

आता खबरो सोपोवच्या आदी, परतून एक फावट आयच्यो मुखेल खबरो

- केंद्रीय घर मंत्री अमित शाह आयज नवी दिल्लींत, घुंवळी वखदां तस्करी आनी राश्ट्रीय सुरक्षा हे विशीं, प्रादेशिक परिशदेचे अध्यक्षपद सांबाळटले.

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्यां नवी दिल्लीतल्या भारत मंडपमांत, राष्ट्रीय युवा दिसा निमतान जावपी विकसित 'भारत युवा फुडारी संवाद 2025' हातूंत वांटो घेतले.

- वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी, फुडल्या पांच वर्सांत अन्न आनी पेय पदार्थ, शेतकी आनी दर्यांतले उत्पादनातल्यान, भारताची एकत्रीत निर्यात 100 अब्ज डॉलर मेरेन पावपाचे लक्ष्य दवरला.

- मलेशिया उक्त्या बॅडमिंटनांत सर्तीच्या सेमी फायनलीत आयज, भारताची सत्विक सैराज रँकिरेडी आनी चिराग शेट्टी हि जोडी, दक्षिण कोरियाच्या जोडी कडेन खेळतली.